# <u>आधार कार्ड रेशन कार्डाक लिंक करपाक 31  मार्च  मेरेन मुजत वाड</u>

ता. 17 जानेवारी  2025

आधार कार्ड रेशन कार्डाक जोडपाक 31  मार्च 2025 मेरेन मुजत वाडयल्या.  नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान आधार कार्ड रेशन कार्डाक लिंक करूक नाशिल्ल्या सगळ्यां पात्र रेशन कार्ड धारकांक 31  मार्च 2025 मेरेन आपले आधार कार्ड रेशन कार्डाक जोडपाची विनंती केल्या.  अशां रेशन कार्डधारकांनी आपले आधारकार्ड संबंदीत तालुक्यातल्या नागरी पुरवण कार्यालयांत सुपुर्द करचे.

31  मार्च 2025 मेरेन आपले आधार कार्ड रेशन कार्डाक जोडूक नाशिल्ल्यांची नावां  रेशन कार्ड तपशीलातल्यान  वगळावपाक येतली आनी वगळायिल्ली नावां परत घालपा खातीर योग्य कारण दिवचे पडटले.

म्हा /सप/    / विगां/ 2025/63

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.